Panaji national 8.1.2026 at 8.40 am

मुखेल खबरो

- केंद्र सरकारान भारताची जनगणना 2027 च्या पयल्या टप्प्या खातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या
- जग एक व्हड बदलाच्या प्रक्रियेतल्यान वता आणि अशो व्यापक घडामोडी घडल्यात, ज्यो जागतिक व्यवस्थेकूच नव्यान परि/भाषित करू शकतात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. जयशंकर हानी म्हणला
- तमिळनाडू विधानसभा वेंचणुके आदीं पट्टाळी मक्कल काची (पीएमके) पक्ष नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्स (एनडीए)त सामील जाला.
- बेकायदेशीर बांगलादेशी स्थलां/तरीतांची वळख करून तांचेर कारवाय करपा खातीर दिल्ली पुलिसांनी खाशेली पडताळणी मोहीम सुरू केल्या.

जनगणना 90

केंद्र सरकारान भारताची जनगणना 2027 च्या पयल्या टप्प्या खातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या.अंदूं घरगणना मोहीम 1 एप्रील ते 30 सप्टेंबर मेरेन सगळ्या राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशानी थारायिल्ल्या प्रमाण 30 दिसांच्या काळा खातीर चलतली. गृह मंत्रालयान जारी केल्ल्या अधिसुचोवणेंत दरेका राज्यान वा केंद्रशासित प्रदेशानी अधिसुचोवणी दिल्ल्या वेळापत्रका/प्रमाण घर गणनेच्या 15 दिसां आदीं स्वयं-गणनेची सुविधा उपलब्ध आसतली अशें सांगलां. दुसरो टप्पो फेब्रुवारी 2027 वर्सा लोकसंख्येची गणनेचो आसतलो. देशांत डिजिटल माध्यमांतल्यान जावपी ही पयली जन/गणना आसतली, जातूंत एंड्रॉयड आनी आयओएस ह्या दोनूय आवृत्त्यां खातीर उपलब्ध आशिल्ल्या मोबायल ॲप्लिकेशनांचो वापर करून डेटा एकठांय करतले

जयशंकर 130

जग एक व्हड बदलाच्या प्रक्रियेतल्यान वता आणि अशो व्यापक घडामोडी घडल्यात, ज्यो जागतिक व्यवस्थेकूच नव्यान परि/भाषित करू शकतात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. जयशंकर हानी म्हणला. भारत-weimar फॉर्मेट बसकेंत दिल्ल्या उलोवपात डॉ. जयशंकर हानि फाटल्या काय वर्षांपासून इंडो-पॅसिफिक क्षेत्रात व्हड बदल दिसून येता अशे म्हणले. वायमार फॉर्मेट बसके खातीर दिल्या आमंत्रणाबद्दल त्यांनी आभार मानले, जातून फ्रांस, जर्मनी आनी पोलंडांतले ताचे समपदस्थ हाजीर आशिल्ले हे चर्चेत मुखेलपणान भारत-युरोपीय संघाचे संबंद, भारत-पॅसिफिक आनी युक्रेन संघर्श हांचेर भर दिल्लो अशें परराश्ट्र मंत्र्यान सांगलें. काल पॅरिसांत फ्रेंच समकक्ष बॅरो हाचे कडेन जाल्ले बसकेंत फ्रांस हो भारताचो एक पोरनो धोरणात्मक भागीदार आनी ह्या वेळार संवसारीक राजकारण स्थीर करपा खातीर एकठांय येवन वावर करप म्हत्वाचें अशें परराश्ट्र मंत्री जयशंकर हांणी सांगलें. अंदूं भारत ब्रिक्स अध्यक्षपद आनी फ्रांस जी 7 अध्यक्षपद सांबाळटा, आनी दोनूय देश जी-20 गटाचे वांगडी आसात अशें तानी नदरेक हाडलें.

जयशंकर 40

दशकां सावन देशांतल्या आतंकवादाक आदार दिवपा हेतान पाकिस्तान आतंकवादी प्रशिक्षण शिबिरां चलयता अशी खर टिका विदेश मंत्री डॉ जयशंकर हांणी केल्या. ऑपरेशन सिंदूरावेळार कांय देशांनी फकत तणावाचेर हुस्को उक्तायलो पूण मुळाव्या प्रस्नां कडेन आड्नदर केली अशे लक्सेंबर्गांत भारतीय समाजा वांगडा उलयताना ताणी म्हणला. **Byte PAK**

गडकरी 60

उत्तराखंडांतल्या पौरी हांगाच्या राष्ट्रीय म्हामार्ग-पाचशे चवतीसच्या दुगड्डा ते गुमखाल विभागांत सुदारणा करपा खातीर सरकारान तीनशे नव्वद कोटी रुपयां वयर मंजुरी दिल्या. रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें, कि ह्या प्रकल्पा खाला 18.1 किलोमीटर लांबीच्या विभागाचो दुप/दरी रसतो म्हणून विकसित करतले जातून दु/तर्फा पक्यो वंय आसतल्यो. उत्तराखंड आणि उत्तर प्रदेश मधली जोडणी सुधारप हो या प्रकल्पाचो उद्देश आसा अशे गडकरी हानी म्हणले

मोदी 110

भारताच्या 'रिफॉर्म एक्सप्रेसाक गती मेळता कारण चालू आर्थिक वर्षात देशाचो जीडीपी ७.४% न वाढपाचो अंदाज आसा, जो फाटल्या आर्थिक वर्षात ६.५% आशिल्लो अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांनी म्हणला. या आकडे/वारीचेर प्रतिक्रिया दितना प्रधानमंत्र्यान म्हणले की, एनडीए सरकारच्या सततच्या गुंतवणूक प्रोत्साहन आणि मागणी- फुडारपणाखाला धोरणात्मक उपाय/योजनांक लागुन विकासाचो अंदाज येता.  सोशल मीडिया पोस्टात मोदी हाणी म्हणले की, मुळाव्यो सुविधा विकास, उत्पादन प्रोत्साहन, डिजिटल भौशिक वस्तू आणि व्यवसाय सुलभतेचे प्रयत्न समृद्ध भारताचे स्वप्न साकार करपाक आसात. राष्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालयाच्या (nso) आकडेवारी वेल्यान अशे दिसून आयले की सेवा क्षेत्रात मजबूत कामगिरी ही विकासाची  एक प्रमुख चालक आसा . चालू आर्थिक वर्षात स्थिर किमतींर वित्तीय सेवा, रिअल इस्टेट, व्यावसायिक सेवा आणि भौशीक प्रशासन ९.९% न वाढपाचो  अंदाज आसा.

**हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात**
**आता मुखवेलयो खबरो**

वेंचणुक 50

तमिळनाडू विधानसभा वेंचणुके आदीं पट्टाळी मक्कल काची (पीएमके) पक्ष नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्स (एनडीए)त सामील जाला. aiadmkचे सरचिटणीस एडप्पडी पलानी/स्वामी हांणी पीएमकेचे मुखेली अंबु/मणी रामदास हांच्या हाजिरेंत चेन्नयत पत्रकार परिशदेंत पीएमकेचो एनडीएंत आस्पाव केल्ल्याची घोशणा केली. भारतीय जनता पक्षा कडेन तांचो पयलींच युती आसा अशें पलानी/स्वामी हानी म्हणले आणि त्यांच्या गटामदि आनीक पक्षांचो  समावेश जावपाची शक्यता व्यक्त केली.

५०

वीज आनी उर्जा प्रणाली ही देशाच्या हवाई क्षमतांचो जीव आसा अशें एअर मार्शल संजीव घुरातिया हांणी सांगलें. मिलिटरी पॉवर सिस्टम्स इंडिया 2026 चे ताणी

उक्तावण केले . संरक्षण आनी हवाई यंत्रणा आतां फकत आदार दिवपी घटक न्हय, तर कार्यकारी गती आनी लवचीकताये खातीर चालक शक्त आसात अशें तांणी सांगलें. Byte

नड्डा 50

अंदू जावपी विधानसभा वेंचणुकेची तयारी पक्षान चड खर केल्ल्यान भाजपा अध्यक्ष जे.पी.नड्डा आयच्यान अस्तंत बंगालाच्या दोन दिसांच्या भेटीचेर आसात. हे भेटी वेळार पक्षाच्या अस्तंत बंगाल युनिटाच्या मुळाव्या समितीची बसका ते घेतले आनी जिल्हो पांवड्यावेल्या जायत्या पक्ष फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. फाल्यां नड्डा आपल्या केंद्रीय मंत्रालयाक संबंदीत अधिकृत बसकांनी वांटो घेतले.

दिल्ली पुलिस 60

बेकायदेशीर बांगलादेशी स्थलां/तरीतांची वळख करून तांचेर कारवाय करपा खातीर दिल्ली पुलिसांनी खाशेली पडताळणी मोहीम सुरू केल्या. हे संबंदीं दिल्ली पुलिसांनी मंगोल/पुरी रेल्वे मार्गा लागसारच्या पांच जाणांक अटक केल्या, जे भारतीय व्हिसा सोंपले उपरांत लेगीत देशांत रावताले. चवकशे वेळार तातूंतल्या खंयच्याच मनशाक कसलेंच वैध वळखपत्र वा प्रवास कागदपत्रां दाखोवंक मेळूंक नाशिल्ल्याचें पुलिसांनी सांगलें. तांकां देशांतल्यान धांवडावपाची प्रक्रिया परकी प्रादेशिक नोंदणी कार्यालयाच्या समन्वयान सुरू जाता.

आयसीसी 90

आयसीसी बायलांच्या टी-20 विश्वचषक 2026 क्वालिफायर मॅचीची घोशणा जाल्या. 14 जानेवारी ते 1 फेब्रुवारी मेरेन नेपाळांत जावपी Global Qualifier tournament सर्तींत निमाण्या चार सुवातीं खातीर धा पंगड सर्त करतले. काठमांडूंत दोन सुवातींनी म्हणजेच त्रिभुवन विद्यापीठ आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट मैदान आनी वयली मुल/पाणी क्रिकेट मैदान हांगा मेची जातल्यो. 18 जानेवारीक ही सर्त सुरू जातली . बांगलादेशा आड नेदर्लंड्स, झिंबाब्वे आड पापुआ न्यू गिनी आनी नेपाळ आड आयर्लंड हांचे मदीं सामनो जातलो. अ गटांत बांगलादेश, आयर्लंड, नामिबिया, पापुआ न्यू गिनी आनी USA जाल्यार ब गटांत नेपाळ, नेदर्लंड्स, स्कॉटलंड, थायलंड आनी झिंबाब्वे हांचो आस्पाव जाता.

वेदर ८०

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब आनी दिल्ली हांगा दाट ते सामके दाट धुकें पडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान orange अलर्ट जारी केला . ईशानेकडची राज्यां, बिहार, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, मध्य प्रदेश, अस्तंत बंगाल, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंड हांगा काय सुवातींनी अशीच परिस्थिती उरतली अशे हवामान विभागानं म्हणला . मजगतीं, हवामान खात्यान छत्तीसगढ , झारखंड आनी आसाम आणि ओडिशात थंड ल्हारांचो अदमास उकतायला. तशेंच आयतारा मेरेन तमिळनाडू, पुडुचेरी, केरळ, माहे आनी कराईकल हांगा काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- केंद्र सरकारान भारताची जनगणना 2027 च्या पयल्या टप्प्या खातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या
- जग एक व्हड बदलाच्या प्रक्रियेतल्यान वता आणि अशो व्यापक घडामोडी घडल्यात, ज्यो जागतिक व्यवस्थेकूच नव्यान परि/भाषित करू शकतात अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. जयशंकर हानी म्हणला
- तमिळनाडू विधानसभा वेंचणुके आदीं पट्टाळी मक्कल काची (पीएमके) पक्ष नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्स (एनडीए)त सामील जाला.
- बेकायदेशीर बांगलादेशी स्थलां/तरीतांची वळख करून तांचेर कारवाय करपा खातीर दिल्ली पुलिसांनी खाशेली पडताळणी मोहीम सुरू केल्या.

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका AYKUNK मेळतले सांजेच्या 6 वरा 30 मिंटांचेर